<u>**दिव्यांग श्रेणींतल्या राज्य पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात**</u>

ता. 2 नोव्हेंबर 2021

समाज कल्याण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक (एक), उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था (एक) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी (तीन) राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग मालक, बिगर सरकारी संस्थां आनी दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.

उत्कृश्ठ दिव्यांग कर्मचारी श्रेणीत दोळयांनी न दिसप, उलोवपाक न येवप आनी आयकुपाक न येवप अशा वर्गात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितले. रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी शाल अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी आनी जिल्हा समाज कल्याण कार्यालय, माथानी साल्डाना प्रशासकीय प्रकल्प, मडगांव हांगा फुकट उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणीत केल्ल्या आवश्यक दाखल्यांच्या प्रती सयत ता. 25 नोव्हेंबर 2021 मेरेन समाज कल्याण संचालनालयांत पावपाक जाय.

हे राज्य पुरस्कार 19 डिसेंबर 2021 दिसा गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं भेटयतलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/915

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji